वॉल्यूम 1, सप्टेंबर 2022

## बूथ स्तरीय अधिकारी

# ई-पत्रिका



## संदेश

*राजीव कुमार*
*भारताचे मुख्य वेंचणूक आयुक्त*



ECI च्या प्रकाशनाचो नवो उपक्रम 'BLO E-Patrika' (बीएलओ ई-पत्रिका) सादर करतना म्हाका खूब खोस भोगता. सशक्त आनी सर्वसमावेशक लोकशायी निर्माण करूंक, तळागाळांतल्या सगळ्या कार्यकर्त्यांक तांचे उत्कट सेवेची तुस्त आसा. मतदार वळेरी वाडोवपा खातीर आनी मतदार जागृताय पसरावपा खातीर आमच्या बीएलओ च्या निरंतरी प्रयेत्नांची दखल घेवप आनी तांचें कौतूक करप, हें ई-पत्रिकेचें लक्ष्य आसा.

भारतीय वेंचणूक प्रक्रिया हें एक व्हड काम आसा, जें संवसार भरांत लक्ष ओढून घेवपा सारकें आसा. खुबश्या वेळार, मतदानाच्या दिसा लक्ष केंद्रीत केल्लें आसतना, घरा-घरांनी वचून, आनी पात्र नागरिकांक मतदान केंद्रा मेरेन व्हरपाचें संपूर्ण कार्य आमी क्वचितच कबूल करतात. हें एका दिसाचें, एका मनशाचें काम न्हय. हें एक समर्पीत आनी बरे तरेन तयार केल्ल्या पंगडाचें कार्य आसा, जाका लागून तें शक्य जाता. बीएलओ पत्रिका तुमकां भारतीय वेंचणुकेचीं बियां रोवपा खातीर, प्राथमीक स्तराचेर वावुरपी पंगड, जांकां प्रशिक्षीत करून तयार केल्यात हांची झलक दितली. प्राथमीक स्तराचेर काम करपी बीएलओचेर उडटी नदर मारपी ही पत्रिका आसा.

मतदाराचें नोंदणीकरण, मतदार वळेरी अद्यावत करपा खातीर घरा-घरांनी सर्वेक्षण करप आनी मतदानाच्या दिसा सहाय्य दिवपी ही बीएलओची म्हत्वाची जबाबदारी आसा. ही ई-पत्रिका मतदार जागृताय कार्यक्रमांच्या बारीकसारीक गजालीं सयत बीएलओक बळकट करतली आनी तांकां आधुनीक तंत्रज्ञान आनी देशभरांतल्या किमान SVEEP उपक्रमा वरवीं संवेदनशील करतली.

बीएलओ पत्रिका वरवीं वास्तवीक खऱ्यो गजाली नदरे मुखार हाडपाचो प्रयेत्न आसा. पत्रिकेचें कथाकन स्वरूप हें वाचप्यांक नक्कीच लाभदायक जातलें.

ही एका प्रकाराची पत्रिका शक्य तितल्या उत्तम प्रकारान फुडें हाडपाचे अथक परिश्रम करपी पुराय पंगडाचे हांव उपकार मानतां. अत्यंत नम्रपणान, हांव ही पत्रिका आमच्या सगळ्या तळागळांतल्या कार्यकर्त्यांच्या हातांत दवरतां, जांचे कडेन भारत वेंचणूक आयोगाची खऱ्यांनीच सत्ता आसा.

(राजीव कुमार)

## संदेश

*अनुप चंद्र पाण्डे*
*भारताचे वेंचणूक आयुक्त*



भारतीय वेंचणुको घेवपाच्या प्रचंड कार्यांतल्यान संघटनात्मक कार्याचें (टीमवर्क) म्हत्व बरे तरेन लक्षांत येता. तांचे येसस्वी अंमलबजावणींत, दरेकी भागधारक खंबीरपणान उबो रावता आनी कोवीडाच्या त्रासदायक काळांत लेगीत भारत वेंचणूक आयोगाक स्वतंत्र, निश्पक्ष, सर्वसमावेशक, भागीदारी आनी सुलभ पद्धतीन वेंचणूक घडोवन हाडूंक सक्षम करपी अदम्य भावना दाखयता. ह्या आदर्श पंगडान वेंचणूक ही देशभरांत मनोवपी उत्सवांत रुपांतर केलां.

BLO ई-पत्रिका ही टीमवर्काचेर भर दिता आनी बूथ स्तरीय अधिकाऱ्याक जोडपाच्या प्रयेत्नांत, BLO च्या काणयांचें तपशिलवार वर्णन सादर करता, जो ECI आनी मतदारां मदीं एक सेतू सारको आसता.

BLO हे मतदारांचे इश्ट, तत्वज्ञानी आनी मार्गदर्शक म्हूण काम करतात आनी तांकां वेंचणूक प्रक्रियेंत वांटो घेवंक मजत करतात. BLO ई-पत्रिका बीएलओन केल्ल्या कामाच्या तपशिला सयत, तांकां प्राथमीक पांवड्यार मेळिल्ले अणभवूय मांडटा. आमचे लोकशायीचो सगळ्यांत व्हडलो उत्सव खरे भावनेन मनोवपाची खात्री करूंक, अथकपणान काम करपी दरेकी बीएलओक समर्पीत BLO ई-पत्रिका दिवंक म्हाका काळजान थावन खोस भोगता.

BLO वतीन प्राथमीक पांवड्यार केल्ल्या कामाची झलक हाताशिल्ले खातीर, ECI आनी CEO च्या कार्यालयांतल्या पुराय पंगडाक हांव परबीं भेटयतां.

(अनुप चंद्र पाण्डे)

# संपादकीय समिती :

ऍन.ऍन.बुटोलिया
वरिश्ठ प्रधान सचीव (मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
संचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार शहरावत
संचालक (प्रशिक्षण), आयआयआयडीईएम

एस.सुंदर राजन
संचालक (ईवीएम)

दीपाली मासिरकर
संचालक (वेंचणूक नियोजन)

संतोष अजमेरा
संचालक (SVEEP) वांगडी संयोजक

# संपादकीय पंगड :

आर के सिंग
समन्वयक SVEEP

अनुज चांदक
जोड संचालक (SVEEP)

नुपूर प्रवीण
वेव्हार सल्लागार (SVEEP)

इशा खान
ग्राफीक डिझायनर

Voter Turnout App | PwD App | Voter Helpline App | cVIGIL App | Know Your Candidate App | Garuda App

एकूय मतदार चुकोवचे नात

# विशीं म्हत्वाचीं तथ्यां

# बूथ स्तरीय अधिकारी







A field day at work for the BLOs

2006 त, वेंचणूक आयोगान, मतदार वळेरीची अचूकताय सुनिश्चीत करूंक, दरेकी मतदान केंद्रा खातीर बूथ स्तरीय अधिकारी (बूथ लॅवल ऑफिसर) नियुक्त करपाची संकल्पना चालीक लायली.

लोकप्रतिनिधी अधिनेम, 1950 च्या कलम 13B (2) खाला, BLO ची नियुक्ती ही सरकारी, निम्न-शासकीय आनी थळाव्या संस्थांच्या अधिकाऱ्यां मदलीच करतात.

BLO हे खरें म्हणल्यार, भारत वेंचणूक आयोगाचे तळागळांतले प्रतिनिधी आसात. प्रत्यक्ष क्षेत्रांतली माहिती एकठांय करप, नागरिकां कडल्यान नोंदणीचीं फॉर्मां एकठांय करप आनी ताका वा तिका नियुक्त केल्ल्या मतदान क्षेत्रा संबंदीत रोल-रिव्हिजन प्रक्रियेंत, तो वा ती म्हत्वाची भुमिका सांबाळटा.

तो/ ती, मतदार वळेरी संबंदीत गजालींनी, स्थानीक लोकांचो इश्ट, तत्वज्ञानी आनी मार्गदर्शक आसा.

वेंचणूक नोंदणीकरण अधिकाऱ्याचे संपूर्ण देखरेखी खाला, बीएलओ माहितीचें संकलन करूंक, क्षेत्राची पडताळणी करूंक, पात्र मतदार, मेल्लो (मृत) मतदार आनी सध्याच्या ठिकाणाचेर रावूंक नाशिल्ल्या मतदारांची वळख करूंक जापसालदार आसता.

## बीएलओ मायलस्टोनः 100% EPIC –AADHAAR लिंकेज

### अनेक जिल्ल्यांतल्यान BLO न 100% EPIC-AADHAAR लिंकेजाचें कार्य पूर्ण केला हांगासर दोन देखी आसात;



**राज्य: नागालँड**
**जिल्लो: कोहिमा**
**नांव: हियरौलिबे**
**हुद्दो: प्राथमीक शिक्षक**
**स्कूल: सरकारी प्राथमीक शाळा, होयनाम्बे**
**मतदान केंद्र: 7/58 होयनाम्बे**



**राज्य: कर्नाटक**
**जिल्लो: कोप्पल**
**नांव: एरममा**
**हुद्दो: प्राथमीक शिक्षक**
**मतदान केंद्र: 194- सरकारी प्राथमीक शाळा**

# बीएलओ काम करतातः प्राथमीक पांवड्या वयलीं चित्रां





## पुनरावृत्ती-पूर्व कार्यावळी

- बीएलओ रेजिस्टर अद्यावत करप
- मतदारांचें घरा-घरा सर्वेक्षण
- फोटोग्राफर कॅप्चर करप & मतदान केंद्रांचेर समन्वयाचें काम करप
- मतदान केंद्रांचेर AMF विशीं माहितीची एकठावणी
- पुनरावृत्ती जाल्लीं ऍपिक काडप
- लोकसंख्या शास्त्रीय नदरेन समान नोंदी काडून उडोवप
- मरण आयिल्ल्या मतदारांचें नांव काडप
- तार्कीक त्रुटी काडप

## पुनरावृत्ती कार्यावळी

- फॉर्म 6,7,8 & हेर फॉर्मां भरप
- घरा-घरा सर्वेक्षण करप
- मतदार वळेरीची छाननी w.r.t. लिंग परिमाण, ईपी परिमाण, युवा नोंदणींतलें अंतर आनी हेर
- आयोगान परिभाशीत केल्ल्या प्रमाणें PwD मतदारांक चिन्नीत करप
- राजकीय पक्षांच्या BLAs कडेन समन्वय करप.

## मतदान-पूर्व कार्यावळी

- BLO मार्फत मतदारांक, मतदार माहिती स्लिपीचें (VIS) वितरण
- गैरहाजीर/ शिफ्ट/ मेल्ल्या मतदारांची वळेरी तयार करप मतदार मार्गदर्शक तत्वांचें वितरण
- रिकामें फॉर्म 12D चें वितरण आनी जेश्ठ नागरीक, PwD
- आनी कोवीड दुयेंतीं कडल्यान भरिल्लें फॉर्म 12D एकठांय करप

## मतदान दिसाच्यो कार्यावळी

- हॅल्प डॅस्क/ मतदार सहाय्य बूथ
- मतदान प्रक्रियेचो सिंहावलोकन

जानेवारी 1 | एप्रील 1 | जुलय 1 | ऑक्टोबर 1

## मतदार नोंदणीकरणा खातीर चार नव्यो पात्रताय तारखो

आदीं, 1 जानेवारीक वा ताचे आदीं 18 वर्सां पुराय जाल्यार, नव्या मतदारांची नोंदणी करताले, आनी ती वर्सांतली एकमेव पात्रताय तारीख आसताली. लोकप्रतिनिधी अधिनेमाच्या कलम 14(b) केल्ले दुरुस्तीक लागून आतां नांव नोंदणी करपाच्यो वर्सांतल्यान चार संदी आसतल्यो. 1 जानेवारी, 1 एप्रील, 1 जुलय आनी 1 ऑक्टोबर अश्यो चार पात्रताय तारखो आसात.

| | |
|---|---|
| नवे मतदार नोंदणीकरण | फॉर्म 6 |
| नांवाचो प्रस्तावीत आसपाव / वगळावणी खातीर आक्षेप | फॉर्म 7 |
| निवास स्थानाचें शिफ्टींग/ विद्यमान ER त नोंदींची सुदारणां करप/ EPIC बदली करून दिवप/ PwDs क चिन्नीत करप | फॉर्म 8 |

# स्मार्ट बीएलओ

## सकयल दिल्ल्या ECI IT ॲप्लिकेशनां वरवीं मतदारांक सुविधा दिता

### *राष्ट्रीय मतदार सेवा पोर्टल*

NVSP (https://www.nvsp.in/) हें नागरिकां खातीर वेंचणूक सेवांचो लाभ घेवपाचें एक पोर्टल आसा. वापरपी मतदार वळखपत्रा खातीर अर्ज करप, नांवाची आसपावणी करूंक ऑनलायन अर्ज करप, मतदार कार्डांत सुदारणां, ई-रोलांत नांव सोदप, मतदान केंद्र, विधानसभा मतदारसंघ आनी संसदीय मतदार संघाचे तपशील पळोवप, आनी असल्या विविध सेवांचो लाभ घेवंक शकता, तशेंच हेर सेवां वांगडा बूथ स्तरीय अधिकारी, वेंचणूक नोंदणीकरण अधिकारी हांचेय संपर्क मेळोवंक शकता.

### *मतदार पोर्टल*

तशेंच, फॉर्म दाखल करपाची प्रक्रिया सुलभ करूंक, 'वोटर पोर्टल' (https://voterportal.eci.gov.in/) ही नोंदणीकरण, नोंदींत फेरबदल, वगळावणी, नामो बदलप आनी हेरां खातीर एक अखंड इंटरफेस पुरवण करता. पोर्टलाचेर लॉगइन करतकूच, नागरिकाक ताचे आदले निवडीचेर आदारीत, वेंचणीची निवड सुचोवपी परस्परसंवादी इंटरफेस सादर करतात.

### *वोटर हॅल्पलायन ॲप (VHA)*

मतदार वळखपत्रा खातीर अर्ज करूंक, मतदार कार्डांत सुदारणां खातीर ऑनलायन अर्ज करप, मतदान केंद्र, विधानसभा मतदारसंघ आनी संसदीय मतदारसंघाचे तपशील पळोवप आनी बूथ स्तरीय अधिकारी, वेंचणूक नोंदणी अधिकारी हांचे संपर्क तपशील मेळोवपा सारक्या विविध सेवा, नागरीक घेवंक शकतात. हें ॲप्लिकेशन Google Play & Apple स्टोर अश्या दोगांयचेरूय उपलब्ध आसात.

### *PWD ॲप*

PwD ॲप हें दिव्यांग व्यक्तीं खातीर आसा. PwD मतदार आपल्याक PWD म्हूण चिन्नीत करूंक, नवी नोंदणीची विनंती, स्थलांतराची विनंती, EPIC तपशिलांत सुदारणां करपाची विनंती, व्हीलचॅरा खातीर विनंती करूंक शकता. हे मतदारांच्या शेव्हिंग आंशीक अंधत्व आनी आंशीक श्रवण अक्षमते खातीर मोबायल फोनाच्या ॲक्सॅसिबिलिटी खाशेलपणांचो वापर करता. हें ॲप्लिकेशन Google Play स्टोर आनी Apple ॲप स्टोराचेर उपलब्ध आसा.

# गरुड़ा ॲप

## स्मार्ट बीएलओ फॉर्म आनी हेर माहिती कॅप्चर करूंक आनी दाखल करूंक, गरूड एप वापरता

गरुड़ा हें 9 ऑगस्ट, 2021 ह्या दिसा संपूर्ण भारतांत चालीक लायिल्लें. आयोगाच्या इन-हावज आयटी पंगडान विकसीत केलां.
BLO न आपलीं कार्यां डिजिटल पद्धतीन करपा खातीर हें एक समर्पीत मोबायल ॲप आसा.
गरूड ॲपाचीं मुख्य कार्यां:

- फॉर्माची चॅकलिस्ट/ फिल्ड पडताळणी
- AMF (आश्वासीत किमान सुविधा) आनी EMF (विस्तारीत किमान सुविधा) विशीं माहिती मेळोवप
- मतदान केंद्रांची GIS-समन्वय कॅप्चर करप
- मतदान केंद्रांचे फोटे अद्यावत करप
- फॉर्मां दाखल (सबमिशन) करप
- गैरहाजीर, शिफ्टेड, मेल्ल्या (ASD) मतदारांक चिन्नीत करप



# प्राथमीक पांवड्या वयल्यो काणयो

## आडमेळींतल्यान फुडें सरप

मतदाना खातीर चडांत चड पात्र नागरिकांची नोंदणी करुंक, BLOs कल्याणकारी उद्दिश्टां आनी वेंचणूक धोरणांचें कशें मिश्रण करतात



### सुकरू माझी

*77 AC Lanjigarh Village, Odisha*

पितृसत्ताकतेचो प्रसार कांय वेळार, अस्तुऱ्यांक भौशीक क्षेत्रां कडल्यान वेगळे वा एकांतांत दवरूंक शकता. ही काणी ओडिशांतल्या कालाहांडी जिल्ल्यांतल्या लांजीगढ तालुक्यांतल्या गांवची आसा.

2020 वर्सा, बायल मतदार नोंदणीकरण ही राष्ट्रीय सरासरी परस कमी आशिल्ली. निरक्षरता, घरगुती शक्तीची गतिशिलताय आनी सामान्य अजाणतायेक लागून बायलांक वेंचणूक प्रक्रियेंत वांटो घेवंक मेळनाशिल्लो अशें नदरेक आयलें.

बूथ क्रमांक 270 च्या सुकरू माझी सारक्या BLO च्या सातत्यपूर्ण प्रयेत्नांक लागून, 2022 त त्या विशिश्ट बुथांत बायलां मतदारांची नोंदणी 17% वयल्यान 67% मेरेन वाडली.

BLO, AWW, ASHA हांचो आसपाव आशिल्लो एक पंगड घरा-घरांनी भोंवलीं आनी नोंदणीकरण प्रक्रिये विशीं जनजागृती केली.

योगदान दिवपीः
श्रीमती संघमित्रा सतपती, जोड सीईओ, ओडिशा






### मिनिंगस्टार सौक्मी

*30-Mairang Village, Meghalaya*

बूथ स्तरीय अधिकारी, मिनिंगस्टार सौक्मी, 30- मैरांग विलेज हांची काणी प्रेरणा दिवपी तशेंच काळजाक पिळ घालपी आसा. मावसमाई गांवांतले 52-वर्सां पिरायेचे, सरकारी कनिश्ठ प्राथमीक शाळेंतल्या शिक्षकान आपल्याक दिल्लें कर्तव्य पूर्ण करतना आनी नागरिकांक वेंचणुकेचें म्हत्व शिकयतना, लोकां कडल्यान खर विरोध सोंसचो पडलो.

असली प्रतिकूल परिस्थिती आसून लेगीत, ते नियुक्त मतदान केंद्रा मेरेन पावूंक, दाट रानां आनी कच्चो रस्तो पार करुन गेलो आनी स्वताक खर वत आनी गर्मी सोंसूंक, कांय वेळार झाडां खाला आलाशिरो घेतलो. थंयच्या लोकांनी ताचो खूब तिरस्कार केल्लो आनी तो EPIC नांव नोंदणी आनी सुदारणां खातीर घरा-घरा भोंवतालो, तेन्ना ताका लोकांनी खूब गाळी संवल्यो आनी अपनाचीं उतरां दिलीं.

असले तरेचो येवकार मेळून लेगीत, तो आपल्या कर्तव्यां कडेन प्रामाणीक रावलो आनी अत्यंत प्रामाणीकपणान गांवांत वेंचणुकेची कसरत केली. गांवांतली नांव नोंदणीची आंकडेवारी सामकी कमी आशिल्ली, पूण BLO न सगळ्यांक नांव नोंदणी करपा खातीर पटोवन दिलें आनी जांकां EPIC ची गरज आशिल्ली, तांकां मजत केली. ताची ही जिद्द आनी चिकाटीक अखेरेक फळ मेळ्ळें आनी तांच्या विरोधांत आशिल्ल्या खुबशा लोकांक EPIC चें सामर्थ्य आनी उपयोगिता कळूंक लागली आनी तांणी स्वता आपली नांव नोंदणी केली. फकत हाकाच लागून BLO क गांवांनी 100% नांव नोंदणीकरण साध्य करपाच्या उद्देशान फुडें वचपा खातीर प्रोत्साहीत करतात.

योगदान दिवपीः
उप-विभागीय अधिकारी (वेंचणूक). प्रभारी नागरी उप-विभाग, मैरांग, मेघालय.





# बातों बातों मैं

## बीएलओ कडेन भासाभास

## सिद्धार्थ शंके

30- फातोर्डे मतदारसंघ, गोंय

नमस्कार, हांव सिद्धार्थ शंके, गोंयांतल्या 30- फातोर्डे मतदार संघाचो, भाग क्रमांक. 23 चो बीएलओ आसा. म्हजें मतदान केंद्र सेंट ऍनी स्कूल, इस्ट विंग, अगाळी हांगासर आसा.

मतदार वळेरीची पडताळणी करप हें बीएलओ म्हूण म्हजें पयलें कर्तव्य आसा. हांव स्थायीक व्यक्ती जाल्ल्यान, म्हाका वेगवेगळ्या ठिकाणांचेर वचूंक सोंपें जालें. हांवें घरा-घरांनी भेट दिली आनी नांवां आनी नामे दुरुस्त केले/ वगळायले आनी नवीं नांवां मतदार वळेरींत आसपावीत केलीं. म्हाका मतदारां कडल्यान सदांच उर्बेभरीत येवकार मेळ्ळा आनी हांवें तांकां पुरायपणान मजत दिवपाचो प्रयेत्न केला.

एका दिसा हांव एका जेश्ठ नागरिकाक भेट दिवंक गेल्लों, तेन्ना ताणें म्हाका सांगलें; आपल्याक फकत मतदान करपा खातीर, 1.4 किलोमिटर परस चड प्रवास करूंक कठीण जाता. आपल्या घरा लागसार मतदान केंद्र उभारूंक जातलें कांय ना, अशी विनंती ताणें म्हाका केली आनी ताचो प्रस्ताव हांवें आमच्या वेंचणूक नोंदणीकरण अधिकाऱ्या मुखार मांडलो. ही विनंती स्विकारली आनी मतदान केंद्र हें सेंट ऍनी स्कूल, इश्ट विंग, अगाळी ह्या सध्याच्या ठिकाणाचेर हाडलें. ताच्या उपरांत, हांवें म्हज्या भागांतल्या सगळ्या मतदारांक नव्या मतदान केंद्राच्या नाम्या विशीं WhatsApp संदेश धाडले. मतदान केंद्र नव्या ठिकाणाचेर व्हेल्ल्यान, लोकांक मतदान करप शक्य जाल्लें. हातूंतली बरी गजाल म्हणल्यार, मतदानाची टक्केवारी 70 चेर सावन 80 टक्केवारी मेरेन वाढ जाली.

म्हाका नेमून दिल्ल्या वाठारांत सगळे मतदार म्हाका बरे तरेन वळखतात. तांकां जेन्ना EPIC कार्डा संबंदीत कसलीय मजत जाय जाल्यार, तेन्ना ते म्हाका संदेश धाडटात. ते म्हाका प्रत्यक्ष भेटूय दितात. म्हज्या मतदार संघांतल्या नागरिकांक खबर आसा, की हांव राष्ट्रीय मतदार सेवा पोर्टल (NVSP) वॅबसायट (www.nvsp.in/voterhelpline) वा गरुड ऍपा वरवीं लेगीत तांकां मदत करूंक शकतां.

सिद्धार्थ शंके (उजव्यान) हांचो बऱ्या कार्या खातीर भोवमान केला.



भारत वेंचणूक आयोग

**Election Commission of India**




# आधार-ऍपीक लिंकेज

## विश्वासनीय & मजबूत मतदार वळेरीचे दिकेन आनीक एक पावल

*नवें फॉर्म 6B भरून तुमचें आधार, हें ऍपिकाक लिंक करचें*

आधार-ऍपीक लिंक करप पर्यायी आसा

